Panaji Regional 29th May 2026 7.25am

गणेश -

मडगावच्या इएसआय हॉस्पिटलात बेगीनूच वैजकी म्हाविद्यालय सुरू जातलें. गोंय सरकारची मागणी बेगीन पुराय करपाचे आस्वासन केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडविया हाणी दिला. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्लीत केंद्रीय मजूर, रोजगार आनी खेळा मंत्री मनसुख मांडविया हांची भेट घेवन तरेकवार विशयांचेर चर्चा जाली. मंगळारा राती दिल्ली गेल्ले मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय मंत्र्यांच्यो भेटी घेतल्यो. बुदवारा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, गृहमंत्री अमीत शहा आनी बंदर, न्हय येरादारी मंत्री सर्बानंद सोनोवाल हांची भेट घेतल्या उपरान बिरेस्तारा तांणी केंद्रीय मजूर आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडविया हांची भेट घेतली. राज्यात भलायकी सेवांचो विस्तार जायत आसा. दोतोरांचो उणाव पयस जावचो म्हूण आनी एका वैजकी म्हाविद्यालयाची गरज आसा. मडगावा इएसआय हॉस्पिटलात वैजकी म्हाविद्यालय सुरु करपाचो निर्णय राज्य सरकारान घेतला. केंद्रान मान्यताय दिले उपरान इएसआय हॉस्पिटलात वैजकी म्हाविद्यालय सुरु जातलें.

Ganesh/Rashmi –

Pर्वरी फ्लायओव्हर, कुणबी विलेज ह्या प्रकल्पांच्या उक्तावणा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे सप्टेंबर वा ऑक्टोबराक गोंयांक भेट दितले. तरेकवार प्रकल्पांच्या उक्तावणा खातीर हांवे तांका गोंय भेटीचे निमंत्रण दिलां, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. हे बसकेंत जायत्या अंतर्गत विभागीय प्रस्नांचेरूय चर्चा जाल्ली अशें तांणी सांगलें. रेंव काडपाचोय प्रस्न उप्रासलो, आनी गोंय सारकिल्ल्या दर्यादेगेवेल्या राज्यां खातीर शिथीलताय मागल्या अशी म्हायती सावंत हांणी दील्या. मंगळारा रातीकडेन दिल्ली गेले मुखेलमंत्री काल सांजे गोंयांत पावले.

Rashmi –

रातच्या धा उपरांत संगीताचेर निर्बंध जाल्ल्यान गोयांत जावपी destination weddings गोयासांवन फोरेनाक वळपाक लागल्यात. व्हिएतनाम आनी हेर आंतरराष्ट्रीय सुवातींनी सारक्या परकी देशांनी destination wedding स्थलांतरीत जाल्यात अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. आवाज प्रदुशण कायद्यांत

दुरुस्ती वरवीं सरकार थारायिल्ल्या मनरिजवणेच्या वाठारांनी कांय शिथीलताय दीवपाची मागणी आपणे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचेकडेन केल्या अशी म्हायती सावंत हांणी दील्या. हो प्रस्न सुटावो जालो कांय लोकांक अडचणी येवची ना अशें तांणी सांगलें. दर्यादेगेर जावपी लग्नांचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान म्हणलें, कांय प्रमाणांत मेकळीक आसूंक जाय, जाका लागून लोकांक येवन तांच्या लग्न आनी उत्सवाचो आस्वाद घेवंक मेळटलो. डेस्टिनेशन लग्न हो थळाव्या अर्थवेवस्थेचो म्हत्वाचो भाग आसून गोंयांतल्या पर्यटनाक चालना दिवपाक मदत जाता अशें सावंत हांणी सांगलें.

Sushant –

पावसाळ्यांत प्रवाशांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर रेल्वेच्या गतीचेर वेगवेगळ्या पांवड्यार नियंत्रण दवरतले. तशेंच 15 जून ते 20 ऑक्टोबर 2026 मेरेन खासा पावसाचे वेळापत्रक कोकण रेल्वे मार्गान धावपी रेल्वेंक लागू जातले अशी म्हायती कोंकण रेल्वे प्रशासनान काल दिल्या.

ह्या काळांत प्रवाशांनी प्रवास सुरू करचे पयलीं गाडयो येवपाचो आनी सुटपाचो वेळ तपासपाचो अशें आवाहन कोंकण रेल्वेचे जनसंपर्क अधिकारी बाबन घाटगे हांणी केलां.

Sushant –

फाल्या शेनवारा ३० मे दिसा वेर्णा जावपी पयल्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य आनी संस्कृती महासम्मेलनांत नामनेची गायिका हेमा सरदेसाय, आदले मुखेल मंत्री चर्चिल आलेमाव आनी मंगळूरचे कोंकणी चळवळीतले वरिश्ठ कार्यकर्ते मार्सेल डिसोझा हांचो कोंकणी विभूषण पुरस्कार दिवन भोवमान जातलो. ग्लोबल रोमी लिपी अभियानाचे अध्यक्ष केनेडी आफोंसो हांणी ही म्हायती दिल्या. संमेलनाचें उक्तावण वालंका आलेमाव हांचे हस्तुकी जातले आणि केळशीचे सरपंच डिक्सन वाज खास सोयरे म्हणून हाजीर आसतले. समारोप सुवाळ्याक गोवा फॉरवर्डाचे अध्यक्ष विजय सरदेसाय मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले.

Weather –

वातावरणांतल्या बदलाक लागून 29 मे ते 3 जून जोगलांच्या गडगडा सयत पावस पडपाची शक्यताय आसा. बिरेस्तारा गोंयांत कांय सुवातांनी पावसाची नोंद जाली. फुडले स दीस गोंयांतलें उण्यांत उणें तापमान 27 ते 28 जाल्यार चडांत चड तापमान 33 ते 35 अंश सेल्सियस मजगतीं उरपाची शक्यताय आसा. गोंयांत 24 वरांत सरासरी

3.1 मिमि पावसाची नोंद जाली. 1 मार्च ते 28 मे मजगतीं सरासरी 74.8 मिमि पावसाची नोंद जाली.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.